**धर्मीक सभा, समाजीक/सांस्कृतीक/धर्मीक कार्यावळींचेर सरकारा कडल्यान बंदी**

पणजी, एप्रील 10, 2020

गृह सचीव, भारत सरकार हांणी सगळ्या समाजीक/सांस्कृतीक/धर्मीक कार्यावळी/मेळावे हांचे शिवाय एप्रील 2020 म्हयन्यांच्या उत्सवांच्या फाटभुंयेचेर खंयच्याय धर्मीक मंडळाक परवानगी बगर समाजीक/धर्मीक मेळाव्यांक, मिरवणुकेक परवानगी दिवंक बंदी हाडल्या आनी लॉकडावन उपायांचें सक्तीन पालन करपाची विनवती राज्य सरकाराक केल्या.

देशांतल्या कोविड – 19 महामारीचेर नियंत्रण हाडपा खातीर लॉकडावन उपायांचेर गृह मंत्रालयान ता. 24 मार्च 2020 दिसा अधिसुचीत केल्ल्या आनी उपरांत 25 मार्च 2020, 27 मार्च 2020, 02 एप्रील 2020 आनी 03 एप्रील 2020 वेळोवेळ सुदारीत केल्ल्या एकत्रीत मार्गदर्शक तत्वांच्या कलम 9 आनी 10 हांचेर लक्ष ओडून घेतला.

कायदो आनी सुवेवस्था, शांती आनी भौशीक शांतताय राखपा खातीर आवश्यक आशिल्ल्या सगळ्या जतनायेची/प्रतिबंधात्मक उपाय योजना करपा व्यतिरिक्त सोशल मिडियाचेर कसल्याय आक्षेपार्य मजकुराच्या प्रसारणां विरोधांत नदर दवरपाचो आदेश जिल्लो अधिकारिणी आनी फिल्ड एजन्सींक दिला.

खंयच्याय लॉकडावन उपायांचें उल्लंघन केल्यार वा ते मोडल्यार, कायदो अंमलबजावणी एजन्सी,आपत्कालीन वेवस्थापन अधिनेम 2005 आनी भारतीय दंड संहितेच्या संबंदीत दंडात्मक तरतुदी अंतर्गत कारवाय करतले.

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA